# रायबंदर-चोडण मार्गार रो-रो फेरी बोट सेवेचे उक्तावण

ता. 14 जुलय 2025

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज रायबंदर-चोडण मार्गार गोंयांतल्या पयल्या रो-रो फेरी बोट सेवेचे उक्तावण केले. रायबंदर-चोडण मार्गार बसपाक एसी सुविधा, वैजकी कर्मचारी आनी हेर आधुनिक सुविधा आशिल्ल्यो "द्वारका" आनी "गंगोत्री" अशो दोन रो-रो फेरी बोटी सुरू केल्यात.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी रो-रो फेरी बोटीक लागून कार्बन प्रदुशण कमी जावपाक मजत जातली आनी गोंयांत बांदलेल्यो ह्यो फेरी बोटी गोंयकारांच्या कुशळटायेचो पुरावो आसा. गोंयांत बोटी बांदपाच्या उद्देगाक चालना मेळटा आनी गोंय हे बोटी बांदपाचे एक मुखेल केंद्र जातले, अशें सांगलें.

उदका मार्गाचो चडात चड उपेग करप हे प्रधानमंत्र्याचे व्हिजन आसून गोंयांत भौशीक येरादारी आनी पर्यटनाच्या मळार उदका मर्गांचो वापर जाता. रो-रो फेरी बोट सेवा भौशीक-खाजगी सहभागान सुरू केल्ली आसून राज्यांतल्या हेर उदका मार्गांचेरय अशी सेवा सुरू करपाचो विचार जातलो, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

न्हंय येरादारी मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय हांणी लोकांच्या सोयीखातीर रो-रो फेरी बोट सेवा सुरू करपाक सहकार्य केल्ले खातीर मुख्यमंत्र्यांचे उपकार मानले.

केंद्रीय नवें आनी नवीनीकरण उर्जा राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक , राज्यसभा खासदार श्री. सदानंद तानावडे, न्हंय येरादारी खात्याच्यो सचीव चेश्टा यादव, मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट, पंचायत वांगडी आनी नागरीक ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/608

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.